**कला आनी संस्कृती खात्याच्या  माटोळी आनी देखावो सजावट सर्तीचो  निकाल जाहीर**

ता. 18 सप्टेंबर 2024

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान ह्या वर्सा गणेश चतुर्थीच्या उत्सवानिमतान राज्य पांवड्याचेर आयोजीत केल्ल्या  माटोळी आनी भौशीक गणेशोत्सव देखावो  सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

**माटोळी सजावट सर्त**- ह्या वर्सा माटोळी सजावट सर्तीत 13 स्पर्धकांनी वाटो घेतिल्लो. माटोळी सजावट सर्तीचे 20,000/- रूपयांचे पयले इनाम  श्री. दत्ता शंभू नाईक, गावठण प्रियोळ, फोंडा, दुसरे 15,000/- रूपयांचे इनाम श्री. तानाजी के. गावडे, तळुले बांदोडा  फोंडा, तिसरे 12,000/-रूपयांचे इनाम श्री. देऊ सत्यवान शेटकर, पिळयें धारबांदोडा, चौथे 10,000/- रूपयांचे इनाम तृप्ती पालकर आनी कुटुंब, बोंडयेवाडो, सावयवेरो फोंडा आनी पाचवे 8,000/- रूपयांचे इनाम श्रीकांत पी. सतरकर, रायत कुर्टी, फोंडा हांका फावो जाला.

माटोळी सजावट सर्तीत उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 5,000 /- रूपयांचे इनाम विशांत वसंत गावडे, केळबाय कुर्टी-फोंडा, रंगनाथ जी. गांवकर, वायंगीणी मये, रमाकांत दुकळो गांवकर, गोठणवाडो बेतोडा, शिवाजी आर. ओजरकर, बांबर नानोडा, आनी विठोबा गावडे, गोठण हांकां फावो जाला.

**देखावो सर्त**- सार्वजनिक गणेश मंडळांखातीर राज्य पांवड्याचेर  आयोजीत देखावो सर्तीचे 35,000/- रूपयांचे पयले इनाम ब्रहमेश्वर युवा संघ, आखाड, सांतईस्तेव्ह,  दुसरे 30,000/- रूपयांचे इनाम कोरगांव सार्वजनिक गणेशउत्सव मंडळ, कोरगांव,  तिसरे 25000/- रूपयांचे इनाम सार्वजनीक सरस्वती उत्सव मंडळ, गोलवाडो कुंभारजूवा,  कला क्रिडा संघ, चौथे 20,000/- रूपयांचे इनाम हरमल सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळ, मधलावाडो हरमल आनी पाचवे 15,000/- रूपयांचे इनाम शांतादुर्गा कला संघ नॉनमॉन वास्को  हांकां फावो जाला.

सर्तीचे उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 10,000 /- रूपयांचे इनाम युवा पणजी मळा, सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळ , तुडव, नेत्रावळी, श्री बाल गणेश सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळ, काजूर केपे, सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळ, कुसमणे केपे आनी राम मंदीर देवस्थान समिती, रामभुवनवाडो, कुंभारजूवा  हांकां फावो जाला.

सर्तींच्या जैतवंतांक इनामां आनी प्रमाणपत्रां कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन आयोजीत करपात येवपी खास कार्यक्रमात भेटोवपात येतली. कार्यक्रमाची तारीख उपरांत  कळोवपात येतली.

म्हा /सप/   / विगां/ 2024/498

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.